NATIONAL NEWS 06.05.2025 @ 8.40 AM

मोदी 90

सीबीआय संचालकाची नेमणूक करपा खातीर आशिल्ले समितीची बसका प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या अध्यक्षतेखाला काल नवी दिल्लीच्या प्रधानमंत्री कार्यालयांत बसका जाली. भारताचे मुखेल न्यायाधीश संजीव खन्ना आनी लोकसभेंचे विरोधी पक्ष फुडारी राहुल गांधी बसकेक हाजीर आशिल्ले. हे बसकेंत फुडल्या सीबीआय संचालकाची नेमणूक करपा विशीं चर्चा जाली. सध्याचे सीबीआय संचालक प्रवीण सूद हांचो दोन वर्सांचो कार्यकाळ ह्या म्हयन्याचे 25 तारखेक सोंपचे आदीं ही बसका जाता.

सीबीआय संचालकाची नेमणूक, केंद्र सरकार तीन वांगड्यांची नेमणूक समितीच्या शिफारशी प्रमाण करता, जाचे फुडारपण प्रधानमंत्री करता आनी तातूंत लोकसभेंचे विरोधी पक्ष फुडारी आनी भारताचे मुखेल न्यायाधीश हांचो आस्पाव जाता.

जितेंद्र 100

विज्ञान आनी तंत्रज्ञान राज्यमंत्री जितेंद्र सिंग हाणी भारतीय संशोधकां खातीर तयार केल्ल्या विज्ञान आनी अभियांत्रिकी मॉडेलां सयत मुळावी एआय आर्किटेक्चर - स्वदेशी भारत एआय ओपन स्टॅक - तयार करपाचें म्हत्व अधोरेखित केलें. नवी दिल्लींतल्या विज्ञान आनी तंत्रज्ञान खाते (डीएसटी) च्या व्यापक नियाळ घेतना तांणी एआय-फुडार पणा खाला नवोपक्रम, डीप टेक स्टार्टअप्स आणि वाढीव मुळावयो सुविधा सामायिक करपा सयत विज्ञान-चालित वाढीत नवीन आणि धाडसी दिशा निर्देशांचे आवाहन केले.

विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां की, हे बसकेंत तांणी खासा करून नव्यान स्थापन जाल्ल्या अनुसंधान राष्ट्रीय संशोधन फावंडेशनाची विकसीत जावपी भुमिका तशेंच जिओस्पॅशियल इनिशिएटिव्ह सारकिल्या चालू आशिल्ल्या राष्ट्रीय उपक्रमांचेर लक्ष केंद्रीत केलां.

गडकरी 100

केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी तेलंनगाणंत 6100 कोटी रुपयांच्या जायत्या म्हामार्ग प्रकल्पांची बुनयाद घाली आनी राष्ट्राक समर्पीत केले. काल सांजवेळा हैदराबादांतल्या अंबरपेट हांगा जाल्ले भौशीक बसकेंत उलयतना गडकरी हांणी येता ते काय वरसांत राज्यात रस्त्यांचें घटमूट जाळें निर्माण करपाचे उतर दिलें. 10 हजार कोटी रुपया खर्च करून हैदराबाद-विजयवाडा म्हामार्गाची स पदरी मार्ग तीन म्हयन्यांनी सुरू करपाची घोशणा तांणी केली. तशेंच तेलंगणा आनी आंध्र प्रदेश हांचे मदीं कृष्णा न्हंयचेर कवचेचो पूल बांदपाची घोशणा केली. देशाचे प्रगतींत तेलंगना आनी हैदराबाद हांचो मुखेल वांटो आसा अशें सांगून फुडल्या 2-3 वर्सांत तेलंगणात दोन लाख कोटी मोलाचे प्रकल्प हातांत घेतले अशेंय आश्वासन मंत्री गडकरी हांणी दिलें.

निर्मला 130

इटलींतल्या मिलानांत जावपी आशियाई विकास बँक ADBचे वर्सुकी बसकेचे फाटभुयेर केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी आपले इटालियन समपदस्त जियानकार्लो जॉर्जेट्टी हांची भेट घेतली. भारत-इटली अर्थीक संबंद घटमूट करपाचे आनी परस्पर हिताच्या प्रस्नांचेर जागतीक आनी बहुपक्षीय माचयेर सहकार्य वाडोवपाचे मार्ग ही विशी तांणी चर्चा केली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी तांची इटालियन समपदस्त जॉर्जिया मेलोनी हांणी नोव्हेंबर 2024 वर्सा जाहीर केल्ल्या संयुक्त धोरणात्मक कृती आराखड्याची २०२५-२०२९ अंमलबजावणी करपाचेर बसकेंत भर दिलो. विकसनशील देशांच्या गरजांक चड प्रतिसाद दिवपा खातीर बहुपक्षीय उदरगत बँकांनी सुदारणा करपाचें म्हत्व दोनूय अर्थ मंत्र्यांनी सांगलें. भारतीय अर्थमंत्री सिता रमण हाणी जपानी अर्थमंत्री कात्सुनोबू काटो हांचे कडे बसका घेवन दोनूय देशां मदल्या खाशेल्या धोरणात्मक आनी जागतीक भागीदारीचेर चर्चा केली. हाचे आदीं अर्थ मंत्री सीतारमण हांणी अठ्ठावनाव्या एडीबी वर्सुकी बसकेंत गव्हर्नरांच्या वेवसायीक

अधिवेशनांत उलोवप केलें आनी भारताची उदरगत कथा आनी विकसीत भारत 2047 च्या दृश्टीकोनाचेर भर दिलो.

LOC50

काल रातीं जम्मू-काश्मीरांतल्या नियंत्रण रेशेचेर पाकिस्तानी सैन्यान केल्ल्या गोळीबाराचो भारतीय लश्करान प्रभावीपणान प्रत्युत्तर दिले. जम्मू-काश्मीरांतल्या कुपवाड़ा, बारामुल्ला, पुंछ, राजौरी, मेंधर, नोवशेरा, सुंदरबनी आनी अखनूर हांगा नियंत्रण रेशेचेर पाकिस्तानी सैन्यान विनाकारण लहान शस्त्रांनी गोळीबार केलो अशें संरक्षण सुत्रांनी सांगलें. भारतीय सैन्यान बेगोबेग आनी फाव ते प्रत्युत्तर दिले. कसलीच जीवितहानी जाल्याची म्हायती ना.

पुतीन 110

रशियेचे राष्ट्राध्यक्ष व्लादिमीर पुतिन हांणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी कडेन फोनाचेर संवाद साधतांना भारतांतल्या पहलगामात जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्याचो खर निशेध केलो. ह्या दूरध्वनी संवादांत पुतीन हांणी निरपराधी लोकांक मरण आयिल्ल्यान तीव्र शोक उक्तायलो आनी आतंकवादाच्या विरोधांत भारताक पुराय तेंको दिलो. ह्या भिरांकूळ हल्ल्याच्या गुन्यांवकारांक आनी तांच्या समर्थकांक न्याय मेळोवन दिवूक जाय हाचेर तांणी भर दिलो. सोशल मिडियाचेर परराश्ट्र मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जयसवाल हांणी सांगलें की , संवादांत भारत आनी रशिया हांचे मदली खाशेली आनी विशेषाधिकार आशिल्ली धोरणात्मक भागीदारी आनीक घटमूट करपाची वचनबद्धताय दोनूय फुडाऱ्यांनी परत उक्तायली. प्रधानमंत्री मोदी हांणी विजय दिसाच्या 80व्या वर्धापन दिसानिमित्त राष्ट्राध्यक्ष पुतीन हांका आपलीं परबीं दिली आनी अंदूच्या वर्साच्या निमाणेंकडे भारतांत जावपी वर्सुकी शिखर सभेंत तांकां आमंत्रित केले.

शाह 180

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला लागू केल्ले तीन नवे गुन्यांवकारी कायदे चालीक लायल्यार तळागळांतल्या पुलिसांची कार्यक्षमताय आनी जापसालदारकी वाडटली अशें केंद्रीय गृहमंत्री आनी सहकार मंत्री अमित शाहा हाणी

सांगलां. अमित शाहा हाणी काल नवी दिल्लींत उपराज्यपाल विनय कुमार सक्सेना आनी मुख्यमंत्री रेखा गुप्ता हांचे वांगडा नियाळ बसकेंत राष्ट्रीय राजधानींत तीन नव्या फौजदारी कायद्यांची अंमलबजावणी करपाचो अध्यक्ष म्हन नियाळ घेतलो. बसकेंत उलयताना तांणी ह्या कायद्यांची अंमलबजावणी करतना अधिकाऱ्यांची जापसालदारकी सुनिश्चीत करपाचे निर्देश दिले . साठ आनी णव्वद दिसां भितर आरोपपत्र दाखल करपाचे प्रक्रियेचेर सतत देखरेख दवरची, आनी ताच्या वेळेचे काटेकोरपणांन पालन करचे अशें तांणी भर दिलो. तशेंच घृणास्पद गुन्यांव प्रकरणांत दोषसिद्धीचे प्रमाण उण्यांत उणें 20 टक्क्यांनी वाडोवपाचे यत्न करपाचे निर्देश ताणी दिले. ई-समन्स थेट न्यायालयांतल्यान जारी करचे, ताची प्रत थळाव्या पुलीस स्टेशनांक धाडची अशें केंद्रीय गृहमंत्र्यान स्पश्ट केलें. तशेंच अभियोग संचालनालयांत नेमणूक प्रक्रिया बेगीन करची आनी खंयच्याय प्रकरणांत अभियोग संचालनालय स्वता अपीलाचेर निर्णय घेता हाची खात्री करपाचो उलो तांणी मारलो.पुलीस, बंदखणी, न्यायालयां, अभियोग आनी न्यायवेवस्थे संबंदीत वेगवेगळ्या नव्या तरतुदींची अंमलबजावणी आनी सध्याची स्थिती हे बसकेंत नियाळ घेतलो. हे बसकेंत केंद्रीय गृह सचीव, राष्ट्रीय राजधानी प्रदेशाचे मुखेल सचीव, दिल्ली पुलीस आयुक्त आनी हेर लोक हाजीर आशिल्ले.

मोक ड्रिल 125

नागरी संरक्षणाची तयारीचे मूल्यांकन करपा खातीर फाल्यां राज्यांक आनी केंद्रशासित प्रदेशांक मॉक ड्रिल करपाक केंद्रीय गृह मंत्रालयान सांगलां. देशांतल्या 244 वर्गीकृत नागरी संरक्षण जिल्ह्यांनी नागरी संरक्षण सराव आनी तालीम करपाचो निर्णय मंत्रालयान घेतला. या सरावाचे आयोजन गांव पातळे मेरेन घडोवन हाडपाची येवजण आसा. केंद्रीय गृह सचीव गोविंद मोहन आयज नागरी संरक्षण मॉक ड्रिलाचेर राज्यांच्या मुखेल सचीवां वांगडा बसका घेतले.

हवाई हल्लो तापमानवाढ प्रणालीची प्रभावीतेचे मूल्यांकन, भारतीय वायुसेनेकडेन हॉटलायन वा रेडिओ संचारण लिंक्स कार्यान्वित करप आनी नियंत्रण कक्षांच्या कार्यक्षमतेची चाचणी घेवप हो मॉक ड्रिलाचो मुखेल हेत आसा . दुस्मानाचो हल्लो जाल्यार स्वताची राखण करपा खातीर नागरिकांक आनी विद्यार्थ्यांक नागरी संरक्षणाच्या तांसाचेर प्रशिक्षण दिवपाचोय आस्पाव ह्या सारवात आसता. ते

भायर, मॉक ड्रिलांत क्रॅश ब्लॅकआउट उपायांची तरतूद, म्हत्वाच्या प्रतिष्ठानांक बेगीन प्रतिष्ठानां camouflaging करपाची तजवीज, अशा कार्यावळीचो आस्पाव जाता.

खेलो इंडिया 90

बिहारांत जावपी खेलो इंडिया युवा खेळां सर्तींत कर्नाटकान वर्चस्व तिगोवन दवरलां आनी सध्या पदकांच्या आंकडेवारींत णव पदकां जिकून पयलो क्रमांक मेळयला. तातूंत चार भांगरा आनी पांच रुप्या पदकाचो आस्पाव जाता. दोन भांगरा पदकां सयत स पदकां जिकून दिल्ली दुसरे सुवातेर आसा आनी राजस्थान दोन भांगरा पदकां सयत तीन पदकां मेळोवन तिसऱ्या क्रमांकाचेर आसा. खेलो इंडिया युवा खेळां सर्तीचो आयज तिसरो दीस. हॉकी, टेबल टेनिस, सायकलिंग , रग्बी ह्यो सर्ती आयज सुरू जातलयो.

हवामान 65

भारतिय हवामान खात्यान आयज अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, गुजरात, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल आनी रायलासीमांतल्या काय सुवातिनी पावस पडपाचो अदमास दिला. फाल्यां आंध्र प्रदेश, यानम, केरळ आनी माहे हांगा अशीच परिस्थिती आसतली अशे हवामान खात्यान म्हणला.